# सॅट/नॅट परिक्षेखातीर  इत्सूक उमेदवारांखातीर मार्गदर्शन सत्रां

ता. 28 एप्रिल 2022

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन आयोजीत केल्ली संगणक आदारीत नॅट- NET आनी सावित्रीबाई फुले पुणे विद्यापिठान आयोजीत केल्ली सॅट-SET परिक्षा दिवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांखातीर उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन मार्गदर्शन सत्रां आयोजीत करपात येता.

नॅट/सॅट मार्गदर्शन सत्रांचो लाव घेवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांनी https://forms.gle/qwnP9GHDz4RkvQyy5. चेर गुगल फॉर्मातल्यान आपली म्हायती भरची. जांणी ह्या पयलीच्या मार्गदर्शन सत्रांक नांवनोंदणी केल्ली आसा आनी जांचे कडेन उच्च शिक्षण संचालनालयान दिल्ले नांवनोंदणी कार्ड आसा, तांणीय गुगल फॉर्म भरचे न्हय, तांणी आपल्या पोरण्या नांवनोंदणी कार्डाचे नुतनीकरण करपा खातीर उच्च शिक्षण संचालनालय कार्यालयांत संपर्क करचो.

गुगल फॉर्मातल्यान आपली पुराय म्हायती सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 4 मे 2022 आसा. उपरांत आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.  नोंदणी शुल्क रोख स्वरूपात भरपाक जाय. अर्ज, जातीचो दाखलो, विद्यार्थ्यांचे वळखपत्र (लागू आसल्यार),  नोंदणी शुल्क भरिल्ल्याची पावती आनी हेर म्हायती तपासल्या उपरांत  9 मे 2022 सावन उच्च शिक्षण संचालनालय , सांख्यिकी विभाग, दुसरो माळो, एस7-ए एसीईआरटी इमारत, पर्वरी हांगा नोंदणी कार्ड जारी करतले. नोंदणी कार्डा खातीर दोन फोटो दिवपाक जाय.

नोंदणी कार्ड व्हरपाची निमणी तारीख 13 मे 2022 आसा. आपल्या पीजी अभ्यासक्रमाच्या निमण्या वर्साक आशिल्लेय विद्यार्थी अर्ज करपाक शकता. मे आनी जून म्हयन्यात उत्तर आनी दक्षीण गोंयातल्या विद्यार्थ्यांखातीर वट्ट 24 वेगळी मार्गदर्शन सत्रां जातली.

विशयांप्रमाण मार्गदर्शकांची नांवां आनी हेर म्हायती  www.Dhe.Goa.gov.in. चेर अपलोड करतले. विद्यार्थी  संबंदीत विशयाच्या मार्गदर्शकाकडेन थेट संपर्क करपाक शकतले. चड म्हायती खातीर सुभाष गांवकार- मो. 9923484696 वा एन्थनी फेर्राव-मो. 9822585141 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/301

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji